# <u>सुटके झुजाऱ्यांच्या सर्वोच्च बलिदानाचे ऋणी रावप-श्री. खंवटे</u>

पणजीः 19 डिसेंबर 2023

म्हापशें आयोजीत केल्ल्या 63व्या गोंय मुक्ती दिसा निमतान राष्ट्रध्वज उबयल्या उपरांत आयटी आनी पर्यटन मंत्री श्री. रोहन खंवटे हांणें म्हणलें की पुर्तुगेज राजवटींतल्यान गोंयाक मुक्ती मेळोवन दिवपा खातीर अथक आनी पराक्रमान झुजपी सुटके झुजाऱ्यांच्या सर्वोच्च बलिदानाचे आमी सदांच ऋणी रावपाक जाय.

मुक्ती दिसाच्या निमतान लोकांक परबीं दितना मंत्र्यान म्हणलें की, गोंय मुक्त करपा खातीर ज्ञात-अत्रात सुटके झुजारी आनी हुतात्म्यांनी आपलें रगत ओतलें. 62 वर्सां पयलीं गोंय मुक्त जाला तेन्ना सावन गोंयान खास करून आयटी, पर्यटन, शिक्षण, भलायकी, साधनसुविधा आनी हेर क्षेत्रांत जायती प्रगती केल्या. गोंयाक सोबीत दर्यादेग आनी मनभुलोवणी न्हंयांची देणगी आसा ते खातीर गोंय आंतरराष्ट्रीय पर्यटन केंद्र म्हूण वळखतात.

गोंयान पर्यटन मळार केल्ल्या प्रगतीचेर मंत्र्यान उजवाड घातलो. गोंय सांस्कृतीक दायज, लोकाचार, आदरातिथ्य, इको टुरिजम आनी निरोगीपणा खातीर संवसारभर फामाद आसा जाका समृद्ध करपाची आनी गोंयची अस्मिताय तिगोवन दवरपा खातीर प्रोत्साहन दिवपाची गरज आसा.

गोंयां खातीर आनी एकूणच देशा खातीर म्हान मराठा योध्दा छत्रपती शिवाजी महाराजान केल्ल्या अफाट योगदाना विशीं लोकांक खास करून तरणाटे पिळगेक जागृत करपा खातीर सरकारान आयोजीत केल्ल्या शिवशौर्य यात्रेची लोकांक याद करून दिली.

गोंय दर्यादेगे भायर आनी सर्वसमावेशक पर्यटना खातीर प्रकल्प करपाचे येत्न सुरू आसात अशें श्री. खंवटे हांणें सांगलें. तशेंच 19 फेब्रुवारी 2024 दिसा गोंयांतल्या वास्को, म्हापशें, फोंडें, मडगांव आनी पणजी अश्या 6 शारांनी पर्यटन खात्या अंतर्गत छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती मनोवपा खातीर पावलां उखल्यात. मुखेल कार्यावळ दिवचल जातली. मंत्र्यान पुलीस पंगड आनी विद्यालयाच्या विद्यार्थ्यां कडल्यान गार्ड ऑफ ऑनर आनी मार्च पास्टाची पळोवणी केली.

वेगवेगळ्या खेळां प्रकारांत उत्कृश्ठ कामगिरी केल्ल्या खेळगड्यांचो मंत्र्याच्या हस्तुकीं भोवमान जालो. तातूंत राष्ट्रीय खेळां सर्त 2023 त स्क्वे मार्शल आर्टांत भांगरा पदक जिखपी श्री. आल्बर्ट जोशुआ फेर्राव, याचिंग सर्तींत भांगरा पदक जिखपी श्री. डेन एडगर आग्नेलो कोयल्हो, स्क्वे मार्शल आर्टांत भांगरा पदक जिखपी श्री. एरी विवेक पेडणेकार, विन्शर सर्तींत श्री. कात्या कोयल्हो जाल्यार याचिंगांत श्री. संजना प्रभुगांवकार हांणी रुप्या पदक जिखलें.

कार्यावळीक म्हापशेंचे उपजिल्होधिकारी श्री. यश्विनी बी., आयएएस अतिरिक्त जिल्लोधिकारी ।।। श्री. पुंडलीक खोर्जुवेंकार, डीएसपी श्री. जिवबा दळवी, म्हापशें पुलीस स्टेशनाचे पीआय श्री. सीताकांत नायक नामनेचे नागरीक हाजीर आशिल्ले.

**डीआय/एनबी/डीबी/पीएन/एनपी/2023/**

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.